# बायलां आनी भुरग्यांचेर गुन्यांव करप्यांआड खर कारवाय जातली- मुख्यमंत्री

ता. 30 नोव्हेंबर 2021

राज्यांत खंयच्याच परिस्थितीत बायलांआड गुन्यांव सोंसून घेवचें नात. बायलां आनी भुरग्यांचेर गुन्यांव करप्यांआड खर कारवाय जातली. बायलां आनी भुरग्यांच्या सुरक्षेखातीर आनी तांचेर जावपी गुन्यांव आडावपा खातीर खर पावलां उबारपात येतली, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगले.

मुख्यमंत्री आयज रायबंदर हांगा महिला आनी भुरग्यांआड सायबर गुन्यांव प्रतिबंधक येवजणेखाला सायबर न्यायवैद्यक प्रयोगशाळेचें उक्तावण केले उपरांत उलयताले.

ह्या सायबर न्यायवैद्यक प्रयोगशाळेक लागून राज्यांत बायलां आनी भुरग्यांआड जावपी गुन्यांव आडावपाक मदत जातली. राज्यांत फाटल्या वर्सा सायबर गुन्यांवांचो सुमार 93 टक्के तपास लागलो, जो देशांत अदीक आसा. ह्या वर्सा सायबर गुन्यांवाखाला 16 गुन्यांवांची नोंद जाली आनी तांतूतल्या 10 गुन्यांवांचो तपास पुर्ण जालो आनी 6 गुन्यांवांचो तपास चालू आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

आयज सगळीं भुरगीं शिक्षणाखातीर , नवीन तंत्रज्ञान शिकपा खातीर मोबायलाचो वापर करतात. अशाच तरेन गुन्यांवकारय गुन्यांव करपा खातीर मोबायलाचो वापर करतात. आयज आमी पळयतात चडशें गुन्यांव ऑनलायन पद्दतीन जातात. ते खातीर कोणीच आपली स्वताची वैयक्तिक म्हायती अनवळखी मनशाक दिवची न्हय. सायबर गुन्यांवांचे प्रकार विंगड विंगड माध्यमांच्या वापरातल्यान जातात. लोकांनी अशां कसल्याय सायबर गुन्यांवांची पुलीस यंत्रणेकडेन नोंद करपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

राज्यांत घडपी गुन्यांवांचो तपास लावपा खातीर पुलीस यंत्रणां सतत काम करीत आसून पुलीस खात्यात नवीन सुदारणां करपा खातीर सरकारान आवश्यक पावलां उबारल्यात, अशेंय तांणी सांगले.

ह्या वेळार आमदार आनी म्हायती तंत्रज्ञान म्हामंडळाचे अध्यक्ष श्री. निळकंठ हळर्णकर, डीजीपी डॉ. इंद्रदेव शुक्ला, आयटी म्हामंडळाचे संचालक विवेक एच.पी., आयजीपी राजेश कुमार, म्हापौर रोहित मोन्सेरात, आयजीपी परमादित्य आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1003

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji